Panaji Regional

29 May 2026  7.20PM

Recycling facility inaugurated at Verna (100)

प्युरसायकल रिसायलिंग प्रायव्हेट लिमिटेड कंपनीच्या रिसायलिंग प्रकल्पाचें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी वेर्णा उक्तावण केलें. तंत्रगिन्यान आनी पर्यावरणीय जापसालदारकी हांचो मेळ घालपी हो प्रकल्प पर्यटनाच्या भायर अर्थवेवस्थेंत विविधताय हाडपाच्या गोंयच्या यत्नांचे प्रतीक असा अशें तांणी सांगलें.

ह्या प्रकल्पाची वर्सुकी प्रक्रिया क्षमता 50,000 मेट्रीक टन आसून 39 नोकऱ्यो निर्माण जावपाची अपेक्षा आसा; तातूंत 87 टक्के थळाव्या लोकांची भरती जावपाची शक्यताय आसा. हांगा ई-कोयर, प्लास्टीक, धातू, बॅटरी आनी हेर पदार्थांचेर प्रक्रिया जातली आनी तातूंतल्यान भांगर, रुपें, तांबें, ॲल्युमिनियम, निकेल सारकिल्लली मोलादीक साधनां मेळटली. केंद्र सरकाराच्या 'वेस्ट टू वेल्थ' संकल्पनेक हो प्रकल्प पूरक आसून गोंयची उद्देगीक उदरगत घटमूट जातली अशें मुखेलमंत्री सावंत हांणी सांगलें.

CM and Yuri on Porvorim Fire (97)

पर्वरे राती निओ मेजेस्टीक कसिनोचे संचालक श्रीनिवास नायक हांचेर जाल्ल्या फारपेटाच्या फांटभुयेर गोंय पुलिशेन ह्या प्रकरणाची चवकशी सुरु केला. ही घ्रडणुक गोंयातलो कायदो आनी सुवेवस्था कशा पध्दतीन  इबाडला ते दाखयता, सराकरान ह्या घडणुकेतल्या गुन्हायकारांक बेगोबेग अटक करुन तांचेर  खर कारवाय करची अशी मागणी विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव आनी आम आदमी पक्षाचे फुडारी  वाल्मिकी नायक हांणी केलां, हे बद्दल उलयताना युरी आलेमाव हांणी सांगलें...(

अशा प्रकारचो हल्लो गोंय सारख्या राज्यांत जावप ही गंभीर बाब आसा आनी सरकार अशे गुन्हे खपोवनय घेवचे ना अशे म्हणून आपली प्रतिक्रिया दिताना मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें...(CM on Porvorim)

CM On Sports Day (103)

शिक्षणातल्यान करीयर घडोवप हे महत्वाचे आसाच, मात खेळामळार स्वतचें करीयर घडोवप हे लेगीत महत्वाचे आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ते कांपला indoor stadium र आयोजित राश्ट्रीय खेळ दिसाच्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. गोंयातल्या तरणाट्यांनी खेळामळार स्वतचो फुडार परजळीत करचो. राश्ट्रीय पावड्यांर जावपी वेगेवगळया खेळा सर्तीत खेळपाक इत्सुक आशिल्लया गोंयच्या खेळगड्यांक राज्य सराकार खेळामळार लागपी साधन सुविदा, प्रशिक्षण, अर्थिक आनी हेर बाबतीन सदाच मदत करतले अशे सांगताना मुखेलमंत्र्यांनी म्हटलें… (CM - On National Sports Day)

खेलेगा भारत , जितेगा भारत ह्या संक्लपनेवरवी २९ आनी ३० ऑगस्ट ह्या काळात गोंय खेळा खात्यान राज्यात खेळामळावेल्या वेगेवगळया कार्यावळींचे आयोजन केला.

Ranbhaji Mahotsav (78)

गोंयांतल्या पारंपारीक रानभाजयेचें आनी गिरेस्त जैव विविधतायेचें म्हत्व उक्तें करपा खातीर मये पंचायत हॉलांत ‘रानभाजी महोत्सव 2026’ आयोजीत केल्लो. ह्या कार्यावळींत उलयतना मयेचे आमदार आनी गोंय राज्य बागायती म्हामंडळाचे अध्यक्ष प्रेमेंद्र शेट हांणी गोंयांत मेळपी वेगवेगळया हंगामी रानभाजयेचें म्हत्व सांगलें. ह्या भाज्यांनी आशिल्ले पोशक तत्व आनी तांचे भलायकीचे फायदे हांचे कडेन तांणी लक्ष ओडलें. बदलपी जिणे पद्दतीक लागून पारंपारीक रान

भाजयेचें म्हत्व उणें जायत आशिल्ल्यान, संबंदीत पारंपारीक गिन्यान तिगोवन दवरून फुडले पिळगेक दिवप गरजेचें आसा अशें तांणी सांगलें.

COLOURS AWARD TO GOA POLICE (111)

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह 7 सप्टेंबराक डॉ.श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियमांत गोंय पुलिसांक President's Colours Award दिवपाच्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण हाजीर रावतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. ताळगांवा श्यामाप्रसाद मुखर्जी स्टेडीयमाचेर ही कार्यावळ सांजेच्या चार वराचेर जातली. देशातल्या 15 राज्यातल्या पुलिशेक हो पुरस्कार फावो जाला , जाल्यार गोंय ह्या राज्यांमदी पाचव्या नंबराचेंर आसा अशें सांगतांना मुखेलमंत्र्यांनी म्हटलें..

Ride of pride (93)

President's Colours Award हो भारतांतल्या लश्करी युनिटाक वा राज्य पुलीस दळाक सुरक्षिततायेच्या सेवेखातीर दिवपी सगळयांत व्हडलो भोवमान जांवन आसा. President's Colours Award ह्या कार्यावळीत हजेरी लावपाक इत्सुक आशिल्लया गोंयकारांक तांच्या थळाव्या पुलिस स्टेशनांनी आमंत्रणाचे पास 4 संप्टेबरासांवन घेवपाक मेळटले. गोंय पुलिशेच्या ride of pride ह्या रॅलीक बावटो दाखयल्या उपरांत उलयताना मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें ....(CM - On Ride of Pride Rally-) Byte ह्यावेळार गोय पुलिशेच्या theme song चे अनावरण जाले. ही कार्यावळ पणजे पुलिस मुख्यालयात जाली.

Tiatr (119)

तियात्राचे जनक पाय तियात्रिस्ट जुवांव आगुस्तीन फर्नांडीस हांचे पोरणे तियात्र परतून जिवीत करून ते रंगमाचयेर सादर करपाचो निर्णय रवींद्र भवन मडगाव आनी तियात्र अकादमी ऑफ

गोवा हांणी घेतला. आयज रवींद्र भवनांत पाय तियात्रिस्ट हांच्या ७९ व्या पुण्यतिथी दिसा खाशेल्या कार्यक्रमाचें आयोजन केल्लें.

तियात्रांत जावपी बदल बरे आनी प्रेरणादायी आसात. आतांच्या युवा तियात्र कलाकारांक तेन्नाचे तियात्र कशे आशिल्ले हाचीय जाणविकाय जावप गरजेचें आसा, अशें तालक हांणी सांगलें. वर्साक उण्यांत उणो एक तरी असलो तियात्र सादर जावचो, अशी इत्सा त्यांनी उक्तायली. रवींद्र भवनाचे वांगडी सचीव मानुएल बारेटो हांणी सांगलें की पाय तियात्रिस्ट हे दूरदृष्टी आशिल्ले तियात्र कलाकार आशिल्ले. तियात्र अकादमीने तांचें चरित्र पुस्तक रुपान लोका मुखार हाडचें, अशें आवाहन त्यांनी केलें. हाका लागून तांचे विचार आतांचे पिळगे मेळटले, अशें त्यांनी सांगलें.

Weather- (23)

गोंय वेधशाळेच्या अदमासाप्रमाण फाटल्या २४ वरांनी गोंयांतल्या चडशा सुवातींनी सामको कमी पावस पडला, आनी फुडेंय राज्यभर मध्यम प्रमाणांत पावस पडपाची बरीच शक्यताय आसा.

Sports (18)

एथलेटिक्स सर्तींत गोंयचें प्रतिनिधित्व चार खेळगडे करतले. ही सर्त 1 ते 3 सप्टेंबर मेरेन लुधियानाच्या गुरुनानक स्टेडियमांत जातली.